**Panaji National News**

**24 may 2026 ,6.30pm**

**एस जयशंकर**

विदेशवेवार मंत्री डॉ एस जयशंकर आनी अमेरिकेचे विदेश सचीव मार्को रुबियो हांणी आयज नवी दिल्लींत व्यापक भासाभास केली. दोनुय नेत्यांनी भारत-अमेरिका सामरिक भागीदारीच्या सामर्थ्याचो पुनरुच्चार केला आणि व्यापार, ऊर्जा, वाहतूक आनी प्रादेशिक सुरक्षा यांसारख्या सहकार्याच्या मुखेल वाठाराची रूपरेखा मांडली..प्रतिनिधी पावद्यार जाल्ले उलोवणे उपरांत पत्रकार परिशदेंत उलयतना डॉ जयशंकर हांणी बेगीनांत बेगीन वेपार करार करपाची गरज उक्तायली, उर्जा वेपारांतल्या विस्ताराक येवकार दिलो आनी भारताचे उर्जा सुरक्षे खातीर विविधताय आशिल्ली उर्जा पुरवण म्हत्वाची आसा अशें स्पश्ट केलें.

**पद्म पुरस्कार**

राष्ट्रापती द्रौपदी मुर्मू फाल्यां नागरी गुंतवणूक सुवाळ्यांत 2026 वर्साचे पद्म पुरस्कार भेटयतल्यो . ह्या संदर्भात 'आकाशवाणीचेर लोकांचो पद्म' ह्या माळेचो एक भाग म्हूण 16 कार्यावळी प्रसारीत जातल्यो .ह्या एपिसोडांनी आयकुप्यांक पद्म पुरस्कार फावो जाल्ल्या लोकांच्या वावराची आनी जिणेची म्हायती दितले . हे एपिसोड आयज आनी फाल्यां 100.1 आकाशवाणी गोल्डाचेर प्रसारीत जातात. तशेंच न्यूज ऑन एअर ॲप आनी NEWS ON AIR OFFICIAL युट्युब चॅनलाचेर आयकूंक मेळटले .

**डॉ. मनसुख**

निरोगी समाज समृध्द राष्ट्र उबारूंक शकता अशें केंद्रीय खेळां आनी वुवा वेव्हार मंत्री डॉ. मनसुख मंदाविया हाणी म्हटला. आयज सकाळीं गुजरातांतल्या अहमदाबाद शारांत सायकल आनी राष्ट्रकुल दिसा निमतान तानी तरणाट्यांक संबोधीत केले .श्री मंदाविया हांणी म्हणलें, सायकल चलोवप हो प्रदुशणाचेर बरो उपाय आसा.. सायकल चलोवपांत इंधनाचीय बचत जाता.उपमुख्यमंत्री हर्ष संघवी, अभिनेतो आयुष्मान खुराना आनी ऑलिंपिक पदक विजेतो गगन नारंग हेय ह्या कार्यावलिक हाजीर आशिल्ले.

**पीयूष**

वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल फाल्यां सावन भारतीय वेवसायीक फुडाऱ्यांच्या शिश्टमंडळा वांगडा कॅनडाक तीन दिसांची भेट दितले. वेपार, गुंतवणूक, आनी भारत-कॅनडा व्यापक अर्थीक भागीदारी काबालात वाटाघाटीक वेग दिवपाखातीर, श्री गोयल ऑटवा आनी टोरोंटो हांगा द्विपक्षीय बसका घेतले अशें वाणिज्य मंत्रालयान कळयलां

**धर्मेंद्र प्रधान**

केंद्रीय शिक्षण मंत्री धर्मेंद्र प्रधान हाणी  केंद्रीय माध्यमिक शिक्षण मंडळाक  (CBSE) त्रुटी-मुक्त पुनर्मूल्यांकन प्रक्रिया सुनिश्चित करपाखातीर  मजत करपाक , इंडियन इन्स्टिट्यूट ऑफ टेक्नॉलॉजी (IIT) मद्रास आणि IIT, कानपूरच्या प्राध्यापक आणि तांत्रिक तज्ञांच्या एका पथकाक  नेम्प्पाचे निर्देश दिल्यात .CBSE च्या निकालाउपरांत  सेवा पोर्टलासंदर्भात विद्यार्थी आणि पालकांनी व्यक्त केल्या चिंता आणि घडामोडींच्या फात्भूयेर  हो  निर्णय घेतला . शिक्षण मंत्रालयान एका निवेदनात म्हटला की, आय आय टी तल्या मधील तज्ञांचे पथक प्रणालीत  तांत्रिक सुधारणा लागू करतले  आणि खास करून  पोर्टलाची स्थिरता आनी सर्व्हरच्या कार्यक्षमतेची तपासणी करतले..

**क्रिकेट**

आयपीएल क्रिकेट सर्तींत , आज 'सुपर संडे'च्या दुहेरी सामन्यात प्लेऑफ पात्रते खातीर  महत्त्वचे सामने सुरु आसात .आयचा  दुसऱ्या सामन्यात, कोलकाता नाइट रायडर्स आणि दिल्ली कॅपिटल्स हॉनच्या मधी कोलकाताचा ईडन गार्डन्स मैदानार  सांजे  ७.३० वरानचेर   खेळ सुरू जातलो.

**४०**

फिफा कडल्यान  मान्यताय  मेळल्या  उपरांत  इराणच्या फुटबॉल संघान आपले फिफा विश्वचषक २०२६ चे  शिबिर अमेरिकेतल्यान  मेक्सिको हागा  हलवपाचो  निर्णय घेतला. पुढल्या  महिन्यात  हि सर्त सुरू जावपाची आसा.  इराण, अमेरिका आणि इस्रायल हांचा मधल्या  वाढत्या राजकीय तणावाच्या भाटभुयेर हो निर्णय घेतला.

**हवामान**

पंजाब, राजस्थान, अस्तंत उत्तर प्रदेश, अस्तंत मध्य प्रदेश, बिहार, झारखंड, छत्तीसगड, ओडिशा, तेलंगना हांगा फुडले दोन ते तीन दीस उश्णताय ल्हारांची परिस्थिती येवपाची   म्हायती हवामान खात्यान दिल्या. फाल्यां दर्यादेगेवेल्या आंध्र प्रदेश, गंगेटिक अस्तंत बंगाल आनी ओडिशा हांचेर उश्ण आनी दमट हवामान आसतलें अशें सांगला.. फाल्यां तेलंगणा, उत्तर प्रदेश आनी विदर्भा हांचेर रातची उश्णताय आसतली असो अदमास हवामान एजन्सी कडल्यान उक्तायला

**कळवणी**

आकाशवाणी पणजी  केंद्राच्या प्रादेशीक खबरां  विभागावरवीं वृत्तनिवेदकाच्या पदाखातीर तात्पुरत्या कराराचेर  पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्लात. उमेदवार पदवीधर आसप गरजेंचे आसा.पिराय 21 ते 50वर्सां मजगती आसची. ताका कोंकणी भाशेचें गिन्यान आसपाक जाय.अर्ज करपाक निमणी तारीक  1 जून 2026 आसा.